# कोंकणी भास,
# साहित्य आनी संस्कृताय

संपादक मंडळ

श्याम वेरेंकार (निमंत्रक)
माधवी सरदेसाय
कमलाकर म्हाळशी

कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

**KONKANI BHAS, SAHITYA ANI SANSKRUTAI**
(Essays on Konkani Language, Literature & Culture)

© कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय

**पयली खेप**
मार्च, २००३

**अक्षरजुळणी आनी मुद्रण**
सुरेश काकोडकार
ओमेगा एन्टरप्राइझेस
११५८, विद्यानगर, मडगांव, ४०३ ६०१

**उजवाडावपी**
कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय
कोंकणी भवन, शंकर भांडारी मार्ग,
विद्यानगर, मडगांव, गोंय ४०३ ६०१

**कव्हर**
श्रीधर कामत बांबोळकार
बांदोर्डे, गोंय.

# १२. कोंकणी व्याकरणाचीं मुखेल आंगां

- प्रा. माधवी सरदेसाय

व्याकरण भाशीक वेव्हाराची बुन्याद. उलोवप-आयकप, बरोवप-वाचप, समजप-समजावप - आमगेल्या भाशीक दिवपा-घेवपाचीं सगळीं आंगां व्याकरणीक बसकेचेर उबीं आसतात. भाशेची तुळा खंयच्याय खेळा कडेन करूं येता. [1] देखीक क्रिकेट घेवंया. ह्या खेळाक बॅट, बॉल, विकेटी, बॅटींग, बॉलींग करपी टिमी लागतात. तशें, सामकें सोंपें करून सांगचें जाल्यार, भाशेक नाद, उतरां, उलोवपी, आयकुपी लागतात. बॅट, बॉल, विकेटी हें क्रिकेटीचें साहित्य, तशें, नाद, उतरां हें भाशेचें साहित्य. क्रिकेटीचें निकटें साहित्य आसलें आनी क्रिकेट खेळपी टिमी आयल्यो म्हूण क्रिकेट गेम जायना. गेमीक नेम लागतात - विकेटी खंय, कश्यो लावप, कोणें ग्रांवडार खंय उबें रावप, कोणें बॉलींग घालप, कोणें बॅटींग करप - हो सगळो वेव्हार नेमांनी बांदिल्लो आसता. भाशेचेंय अशेंच - भास म्हळ्यार निकटी नादांची आनी उतरांची वळेरी न्हय. क्रिकेटीचे नेम बॅट, बॉल, विकेटीं भितर जीव हाडटात तशे भाशेचे नेम नादां-उतरांची वळेरी चलती-भोंवती करतात - खंयचो नाद खंयच्या नादा वांगडा येवं येता वा, खंयच्या नादाच्यान खंयच्या नादा वांगडा येवं नज, नादांचीं उतरां कशीं घडोवचीं, उतरांचीं वाक्यां कशीं करचीं, भाशेच्या व्याकरणान सगळें नेमून दिल्लें आसता. क्रिकेटीचे नेम कोणें किलले रन काडचे, कोणें कोणाक केन्ना आवट करचो तें आमकां सांगना. तशें, भाशेचें व्याकरणूय कोणें केन्ना खंयचीं उतरां

---

१. भासविज्ञानाचे म्हालगडे - फेर्दिनां द सोस्यूर भाशेचे बांदावळीचीं तत्वां बुद्धिबळाच्या खेळाची ओपार दिवन समजायताले. पळयात : Course in General Linguistics (1959) 1974 Glasgow : Collins पानां : २२, ८८, ११०.

वापरून खंयचीं वाक्यां घडोवचीं ते विशीं कांय उलयना. खेळाचे नेम पाळुनूच आमच्यांनी आमकां जाय तशें खेळूं येता तशेंच, भाशेच्या व्याकरणाक पाळो दिवनूच आमच्यांनी आमकां जाय तशें उलोवं, बरोवं येता. हीच खेळांतली आनी भाशेंतली नेमांनी बांदिल्ली सर्जनशिळताय. च्योम्स्कींच्या उतरांनी, 'rule governed creativity'. [2]

नेम दोन तरांचे आसूं येतात. १) भायल्यान लादिल्ले नेम आनी २) भितरले बांदावळीचे नेम. [३] जेवण वाडपाचे लेगीत नेम आसतात - पान कशें दवरचें; उदकाचो पेलो खंयचे वटेन दवरचो; शीत खंय वाडचें; मीठ, लोणचें शिताचे खंयचे वटेन वाडचें; भाजी, तळिल्ले खंयचे वटेन आसचें - सगळें संस्कृतायेन नेमून दिल्लें आसता. पूण हे नेम मोडुनूय आमच्यांनी वाडूं येता वा जेवं येता. हाचे वेल्यान, हे नेम वाडपाचे करणेक फकत एक सर्वमान्य रूप दितात, ते कोणें तरी भायल्यान वाडपाचेर लादल्यात - वाडप तांचेर निंबून ना म्हणपाचो आमच्यांनी अदमास लावं येता. भितरले बांदावळीचे नेम वेगळे तरेचे. खेळाचे, व्याकरणाचे नेम हे जातीचे. ह्या नेमां आड वचून आमच्यांनी खेळाची वा भाशेची कल्पनाच करूं नज. देखीक, कॅच धरले उपरान्तूच तोच गडी आनीक रन काडत रावलो जाल्यार त्या खेळाक आमच्यांनी 'क्रिकेट' म्हणूंक जावचें ना. तशेंच, 'लिंग' म्हळ्यार नसतो घोळ अशें मानून इंग्लीशींत 'good boy', 'good girl', 'good table' जाता तशें आमी कोंकणींत 'बर चलो', 'बर चली', 'बर मेज' करूंक लागलीं जाल्यार ही भास कोंकणी उरची ना.

भासविज्ञानीक भाशीक वेव्हारांतल्यान भाशेचे बांदावळीचे नेम फकत सोदून काडटा आनी कागदार मांडटा - आमची भास आसा तशी आमकां दाखयता. पारंपारीक व्याकरणकारूय भाशेचे बांदावळीचे नेम भाशेच्या वापरांतल्यान सोदून काडटा; पूण जायते फावटी तो/ती भाशेच्या वापराचेर भायल्यान नेम लादता. भाशेचें व्याकरण सदांच सगळ्याक 'फॅर्राद' आसना. मर्दीं मर्दीं तांतुंतूय चुरी

---

२. अदीक जाणकारी खातीर वाचात : Chomsky, Noam : Rules and Representations (1980) 1986. Oxford : Basil Blackwell.

३. इंग्लीशींत, अनुक्रमान, regulative rules आनी constitutive rules. पळयात : Atkinson, M. et al. पान : ५.

आसतात. देखीक, 'खोंट' चें भोववचन 'खोंटी' जावं येता तशें 'खोंटो' य जावं येता, 'चीट' चें 'चिटी' जावं येता तशें 'चिटयो' य जावं येता. 'चली' उतराक दोन लिंगांय आसूं येतात - 'म्हजी चली आयली' जावं येता तशें 'म्हजें चली आयलें' जावं येता. भासविज्ञानीक असल्या गजालींक लागून अस्वस्थ जायना. पारंपारीक व्याकरणकार मात असलीं भाशेंतलीं 'उणेपणां' निटायेर घालपाचो यत्न करता. एका उतराक दोन लिंगां, एका एकवचनाक दोन भोववचनां ताका सोंसनात. 'ते ऽ दीस तो आयिल्लो' सारकेल्या वाक्याचें पारंपारीक व्याकरणकार 'त्या दिसा तो आयिल्लो' करता. देखून पारंपारीक व्याकरणांत मदीं मदीं व्याकरणकाराल्यो फर्मावण्योय येतात. भासविज्ञानीक व्याकरण मात भाशेचे वेवस्तेचें निकटें 'वर्णन' आसता.

## कोंकणी व्याकरणाचीं मुखेल आंगां.[४]

कोंकणी सारकेले भाशेचें बांदावळींत मुखेलपणान तीन थर पळोवंक मेळटात-

१) नादांचे बांदावळीचो थर

२) उतराचे बांदावळीचो थर, आनी

३) उतरा परस व्हडल्या रुपाचे, सामान्यतायेन वाक्याचे बांदावळीचो थर.

परिभाशीक उतरावळ वापरून म्हणूं येत, स्वनीम-विचार (Phonology), पद-विचार (Morphology) आनी वाक्य-विचार (Syntax) हीं व्याकरण-विचाराचीं तीन मुखेल आंगां.[५]

## स्वनीम-विचार

भाशेचे बांदावळीचे नदरेंतल्यान दर एका भाशीक नादाचें - स्वनाचें[६] म्हत्व

४. दर एके बोलयेचें आपणालें अशें खाशेलें व्याकरण आसता. एके भाशेच्या वेगळ्या वेगळ्या बोलयां भितर इल्लीं इल्लीं व्याकरणीक वेगळेपणां पळोवंक मेळटात. देखून ह्या निबंदांत कोंकणीचो उल्लेख येता तेन्ना तांतुंतली विधानां बरयतलेचे बोलयेक सगळ्यांत अदीक लागू जातात म्हणपाची चत्राय वाचप्यांनी बाळगुची.

५. भासविज्ञानीक व्याकरणांत भाशेच्या अर्थाच्या आंगाचो विचारूय (Semantics) आसपावता. पूण ह्या निबंदाचो आंवाट चडूच रंदावत म्हूण हांगा फकत नाद-उतर-वाक्य हे तीन पांवडे हिसपांत घेतल्यात.

मोलावन केल्लो नादांचो अभ्यास म्हळ्यारूच भाशेचो स्वनीम-विचार. सोंप्या उतरांनी, हें भाशेचें नादांचें व्याकरण.

भाशेच्या स्वनां मजगतीं तीन तरांचीं नातीं आसूं येतात :

१) विरोधाचें नातें

२) पालवी नाते, आनी

३) मेकळ्या बदलाचें नातें.

परिभाशीक उतरावळ वापरून सांगचें जाल्यार भाशेचे स्वन-वेवस्तेंत स्वनांची तीन तरांची मांडावळ आसता -

१) विरोधी मांडावळ

२) पुरक मांडावळ, आनी

३) मेकळी मांडावळ

**विरोधी मांडावळ :** दोन स्वनांक भाशेंत पडना तेन्ना तांची मांडावळ विरोधी आसता. देखीक, 'कण' आनी 'खण' हे जोडयेंत एकेच सुवाते वयल्या एकाच नादाच्या कुस्कूट वेगळेपणाक लागून दोन वेगळीं उतरां - दोन वेगळे अर्थ घडटात. हांतुंतल्यान कोंकणी नादांच्या व्याकरणांत 'क्' आनी 'ख्' च्या वेगळेपणाक म्हत्व आसा म्हणपाचें सिद्ध जाता. 'बड' आनी 'पड', 'मर' आनी 'मार', 'चार' (पणसाची) आनी 'चार' (आंकडो), 'जून' (देखीक, जून आंबो) आनी 'जून' (म्हयनो) ह्योय असल्योच, नादांचें उण्यांत उणें वेगळेपण आशिल्ल्यो जोडयो. [७] ह्यो जोडयो म्हळ्यार, भाशेचे नादांचे बांदावळीच्या मुळाव्या घटकांचे दाखले. वयर दिल्ल्या जोडयां वयल्यान क् आनी ख्, ब् आनी प्, अ आनी आ, च् (ताळवें) आनी ज् (दांतयें) हे कोंकणी नादांचे बांदावळींतले मुळावे - म्हत्वाचे फरक म्हणपाचें उकतें जाता.

**पुरक मांडावळ :** हांगा दोन वा दोनां परस अदीक स्वनां भितर कामाची वांटणी जाता.

---

६. स्वन म्हळ्यार "भाशीक नाद". 'Phone' ह्या येवरोपी, भासविज्ञानीक परिभाशीक उतराचें हें भारतियीकरण.

७. असल्या जोडयांत इंग्लीशींत 'Minimal pairs' म्हणटात. ह्या उतराक भारतीय भासांनी 'अल्पतम युग्म/जोडी', 'न्यूनतम युग्म/ जोडी' हीं उतरां रूढ जावपाक लागल्यांत.

देखीक, कोंकणींत इ, ई, उ, ऊ ह्या स्वनां भितरय आशिल्ली मांडावळ घेवं येता. ई, ऊ फकत निमाण्या अक्षरांत [८] येतात, इ, उ हेर कडेन आसतात - ती, तूं सारकेल्या उतरांनी ऊ येता, तिचो, तुजो सारकेल्या उतरांनी उ येता.[९]

**मेकळी बांदावळ :** हांगा दोन वेगळे वेगळे स्वन एकेच सुवातेर मेळटात, पूण स्वनांच्या वेगळेपणाक लागून उतराच्या अर्थांत कांय बदल घडून येनात. देखीक, फोगेट , फार हीं कोंकणी उतरां foget, far अशीं वा phoget, phar अशीं पेडणेचे पद्दतीन उच्चारलीं म्हूण भाशेंत अर्थाचे नदरेन कसलोच बदल घडून येना. हे तरेच्या बदलाक नेम ना - f बदला ph खंयूय येवं येता. देखून ताका 'मेकळो बदल' म्हणटात.

**स्वनीम-स्वन-स्वनांतर :** स्वनीम म्हळ्यार अर्थाचो बदल घडोवन हाडपाची तांक आशिल्लो भाशेचे स्वन-वेवस्तेचो ल्हानांतलो ल्हान घटक. स्वनिमाक अर्थ आसना. पूण स्वनिमाच्या वेगळेपणाक लागुनूच अर्थाचो फरक घडटात. स्वन-वेवस्ता दाखोवंक येना, पूण आमच्या भाशीक वेव्हारांत ती आसता, तांतुंतल्यानूच ती उकती जाता. तशें स्वनिमूय दाखोवंक येना, पूण आमचे जिबेर घोळपी, कानार पडपी स्वनांतल्यान तें आसा म्हणपाचें जाणवता.

भासविज्ञानांत स्वनीम दाखोवपाक नादाचे कुरवे भोंवतणी तिरप्यो आडयो// काडटात आनी स्वन दाखोवंक चौकोनी कंस काडटात. /क्/ हें स्वनीम आनी [क्] ह्या स्वनिमाचो स्वन.

विरोधी मांडावळ भाशेंतलीं स्वनिमां दाखयता. पुरक आनी मेकळे मांडावळींतल्यान स्वनांतरां उकतीं जातात. स्वनांतरां म्हळ्यार फकत स्वनांचे फरक. हे फरक व्याकरणीक नदरेन वयलेचाराचे आसतात - अर्थाच्या घडपांत तांचो हातभार लागना. [i] आनी [i:], [u] आनी [u:] हांची पुरक मांडावळ अशी दाखयतात :

---

८. अक्षर = Syllable.

९. तश्यो सगळ्या कोंकणी स्वरांच्यो मोटव्यो/लांब जोडयो मेळटात. पूण देवनागरी लिपयेंत फकत दोनूच लांब स्वरांक खाशेल्यो कुरवो आशिल्ल्यान आमकां फकत दोनूच लांब स्वर 'दिश्टी पडटात.'

/i/ < [i:] निमाण्या अक्षरांत
[i] हेर कडेन

/u/ < [u:] निमाण्या अक्षरांत
[u] हेर कडेन

/i/, /u/ हीं स्वनिमां जाल्यार [i:], [i], [u:], [u], हीं ह्या स्वनिमांचीं वेगळ्या वेगळ्या संदर्भांनी मेळपी रुपां. [i:], आनी [i], [u:] आनी [u] हे अनुक्रमान [i] आनी [u] चे वांगडी-स्वन.

[f] आनी [ph] चें मेकळें वेगळेपण अशें दाखयतात :

[f] < [ph]
[f]

[f] आनी [ph] हे /f/ चे वांगडी-स्वन. हें मेकळें स्वनांतर देखून ताका कसलेंच स्पश्टींकरण लागना.

स्वनांतराचें व्याकरण अर्थाचे नदरेन म्हत्वाचें न्हय. पूण भाशेच्या 'सुवादा'चे नदरेन तें भोव म्हत्वाचें.

स्वनांचें वितरण हेंय भाशेचे स्वन-वेवस्तेचें एक म्हत्वाचें आंग. भाशेचे सगळे स्वन सगळ्याक - उतराचे सुरवेक, मदीं आनी निमाणे कडेन मेळटाच अशें नासता. देखीक, **ण्** हो कोंकणी स्वन-वेवस्तेंतलो म्हत्वाचो स्वन. पूण तो उतराचे सुरवेक मेळ ना.[10] अल्पप्राण-म्हाप्राणाचो फरक कोंकणींत म्हत्वाचो. अल्पप्राण कोंकणींत सगळ्या सुवातांनी मेळटात. म्हाप्राण मात उतराचे सुरवेकूच सारके मेळटात. उतराचे मदीं आनी निमाणे कडेन ते एक तर मोवाळ जातात वा अल्पप्राण जातात. देखीक, 'भार', 'घरय', 'धार' हीं उतरां कोंकणी जिबेर 'बार', 'गरय', 'दार' अशीं चडशीं जायनात, 'वळख', 'जीख', 'आधार' मात चडशीं 'वळख' 'जीक' 'आदार'च जातात.

---

१०. 'णव' सारकेल्या उतराचो आडवाद सोडल्यार.

स्वनिमां उतरांत एकामेकांक तेंकून येतात तेन्ना तांचो एकामेकांचेर प्रभाव पडटा. उच्चारणाच्या सोंपेपणाक लागून जायते फावटीं एक स्वन दुसऱ्या स्वना कडेन जुळोवन घेता. कोंकणी देखी घेवंया -

१. काड् + ता = काड्टा = काट्टा

(त्, ड् बशेन माथयें जाता. ड् ट् बशेन अघोश जाता.)

२. सांड् + ता = सांड्टा = साणटा.

(त् ड् बशेन माथयें जाता. नाकयो स्वर वता, ड् चे बदलाक नाकयें व्यंजन ण् येता.)

## पद्-विचार आनी वाक्य-विचार

पद-विचार आनी वाक्य-विचार हे भाशेचे व्याकरणी बांदावळीचे दोन थर खरे. पूण च्यॉम्स्कीचे परंपरेंतल्या भासविज्ञानिकांच्या वावरांत **'Syntax'** ह्या नांवा खाला ह्या दोनूय थरांचो सांगातानूच अभ्यास जाल्लो पळोवंक मेळटा. हाका कारणूय आसा - ज्या भासांचें पद-विचाराचें दालें जड आसता ताचें वाक्य-विचाराचें दालें ल्हव आसता आनी ज्यो भासो वाक्य-विचाराच्या आंगान भरीव आसतात त्यो पद-विचाराच्या आंगान पोकळ आसतात. देखून, पद-विचार आनी वाक्य-विचार ह्या दोनूय थरांचो सांगातान अभ्यास करपूच अदीक समा जाता.

कोंकणींत विभक्तीचीं कुसां नामांचीं वाक्यांतलीं कार्यां स्पश्ट करतात. इंग्लीशींत हीं कार्यां **on, in, of** सारकेल्या स्वतंत्र उतरांतल्यान उकतीं जातात.[१२]

| | | | |
|---|---|---|---|
| देखीक : | घरार | : | On the house |
| | घरांत | : | In the house |
| | घराचो | : | Of the house |

देखून कोंकणीच्या व्याकरणांत कुसां लागून नवीं उतरां कशीं घडटात ताचेर अदीक भर दिवची पडटा आनी इंग्लीशीच्या व्याकरणांत खंयचें उतर खंयच्या उतरा म्हऱ्यांत येता त्या, वाक्याचे रचणुकेच्या नेमांचेर अदीक नेट दिवचो पडटा.

---

११. हाका इंग्लिशींत **'assimilation'** म्हणटात, भारतीय भासांनी 'समीकरण'.

१२. हांगा **'S** (देखीक, **Sujalas**) ह्या कुसाचो आडवाद आसा.

कोंकणी पद-विचारप्रधान भास आशिल्ल्यान कोंकणी वाक्यांतलीं उतरां हेवटेनचीं तेवटेन जालीं जाल्यार वाक्य अशुद्ध - चूक जायना. इंग्लीशीचे वाक्याचे बांदावळी कडेन मात आमच्यांनी ही मेकळीक भोव थोड्या प्रमाणांत घेवं येता.

देखीक -

पाख्यार बुकलो बसला.

A cat is sitting on the roof.

कोंकणी वाक्यांतलें खंयचेंय उतर खंयच्याय क्रमान आयलें म्हूण वाक्य व्याकरणा - भायरें जायना. इंग्लीशीचें मात जाता. On the roof a cat is sitting म्हणूं येता. अशें तशें, कवितेंत बी On the roof is sitting a cat हेंवूय म्हणूं येता. पूण On the roof, a cat, is sitting, ह्या पद-बंदांतल्या उतरांतलो क्रम मात आमच्यांनी कसोच बदलूं नज.

**रुपीम - रुपिका - रुपिकांतर :** मेकळ्या भाशीक नादांक अर्थ आसना, पूण नादांचे रचणुकेक अर्थ आसता. [p], [t], [k], [a] हे नाद निरर्थक. पूण ते वांगडा येवन घडिल्लीं पात, ताक, काप, ताप, कात हीं भाशीक रुपां अर्थपूर्ण. भाशेचे बांदावळीच्या ल्हानांतल्या ल्हान अर्थपूर्ण घटकांक रुपीम म्हणटात.

स्वनिमा वरी रुपीम हीय व्याकरणाच्या अमूर्त पांवड्या वयली संकल्पना. भाशीक वेव्हारांत प्रत्यक्ष घोळपी अर्थपूर्ण घटकांक रुपिका म्हणटात. रुपीम दाखोवंक कोंगरे कंस वापरतात जाल्यार रुपिका दाखोवंक तिरप्यो आडयो वापरतात. {पात} हें रुपीम जाल्यार {पात} ही रुपिका. रात, राती, रातचो, रात-राणी, रात-दीस ह्या सगळ्या उतरांनी {रात} हें रुपीम आसा. {रात} ह्या उतरांत हें एकूच रुपीम आसा जाल्यार हेर उतरांनी ह्या रुपिमा वांगडा आनिकूय रुपिमां आसात. देखीक, राती ह्या उतरांत दोन अर्थपूर्ण घटक आसात - {रात} आनी {भोव वचन}.

एका रुपिमाच्यो भाशेंत दोन वा दोनां परस अदीक रुपिकाय मेळूं येतात. देखीक {पणस} हें रुपीम घेवंया. हें रुपीम वाक्यांत मेकळेपणान - कसलेंच कूस घेनासतना येता तेन्ना तें /पणस/च उरता. कूस लागपाच्या वेळार तें /पण्स्/ जाता (देखीक, पण्साक, पण्साचो). {भोव वचन} ह्या रुपिमाच्यो तर उतरांचें लिंग आनी ताच्यो स्वनिमीक बारिकसाणी हांचेर आधारून आशिल्ल्यो कितल्योश्यो रुपिका मेळटात. देखीक, व्यंजनान सोंपपी नपुंसकलिंगी नामा वांगडा /-आं/ रुपिका मेळटा

(फूल : फुलां, फळ : फळां); अँ स्वरान सोंपपी नपुसलिंगी नामा वांगडा (ईं) रुपिका मेळटा. (केळें : केळीं, शेवणें : शेवणीं), व्यंजनान सोंपपी कांय स्त्रीलिंगी नामांनी /ई/ रुपिका मेळटा, तर कांय नामांनी /-ओ/ रुपिका मेळटा (वात : वाती, कायल : कायली, वाट : वाटो, बायल : बायलो)... एका रुपिमाच्या रुपिकां भितरल्या वेगळेपणाक रुपिकांतर म्हणटात. रुपिकांतर अशें दाखयतात :

{पणस} < /पण्स्/ फाटल्यान कूस लागता तेन्ना
/पणस/ हेर कडेन

भोववचनाच्या रुपिकांची वळेरीय अशीच दिवं येतली. वयले देखींत /पण्स/ आनी /पणस/ ह्यो (पणस) रुपिमाच्यो वांगडी-रुपिका.

उतराचे बांदावळींत दोन थर आसूं येतात -

१) भितरलो - उतराचे निजी बांदावळीचो थर, आनी

२) भायलो - उतराचे कार्यी बांदावळीचो थर.

दोन वा दोनां परस अदीक रुपिमां एकठांय येवन भाशेंत नवीं उतरां कशीं घडटात ताचो अभ्यास निजी बांदावळीच्या पद-विचारांत आसपावता. भाट-बेंस, भांगर-शिंगर, सोबितकाय, गिरेस्तकाय, शाणेपण, मस्तेपण, कोयतूल, फोणकूल, रुखावळ, हाडावळ हीं अशे तरेन घडिल्लीं कोंकणी उतरां. वाक्यांत वांटो घेतना उतरांत लिंग, वचन, विभक्ती, काळ बी हांकां धरून कसले कसले बदल घडटात ताचो अभ्यास कार्यी बांदावळीच्या पद-विचारांत आसपावता. कार्यी बांदावळीच्या व्याकरणाचे नेम निजी बांदावळीच्या व्याकरणाच्या नेमां परस तांकिवंत आसतात. देखीक, व्यंजनान सोंपपी नपुसकलिंगी नामाचें भोववचन -आं कूस लागून जाता हो नेम सगळ्या व्यंजनान सोंपपी नपुसकलिंगी नामांक लागू जाता. रुपिमां गांठावन उतरां घडोवपाच्या नेमांची तांक मात मर्यादीत आसता. विशेशणांक कांय कुसां लावन भाववाचक नामां घडोवपाचो नेम घेवंया. गिरेस्त : गिरेस्तकाय, सोबीत : सोबितकाय, सुंदर : सुंदरकाय, गरीब : गरिबकाय. हीं हे तरेन घडिल्लीं कोंकणी उतरां. पूण होच नेम लावन घडयल्लीं *गुणेस्तकाय, *रुपेस्तकाय, *सरळकाय हीं उतरां आमकां कोंकणींत मेळनात.

हालीं कोंकणीन परिभाशीक उतरावळींचो कांच घतिल्लो दिश्टी पडटा - भासविज्ञान, समिक्षाशास्त्र बी मळांचेर वावर करपाक, इतलेंच न्हय तर सरकारी

कचेऱ्यांनी कोंकणीक रीग दिवपाकूय कोंकणींत उतरावळ उणी पडटा अश्यो खंती आमी उकतायत आसतात. हांगा कोंकणी उतरांचे निजी बांदावळीच्या अभ्यासाचो आमकां खूब आदार जावं येता. शणै गोंयबाबांची खरेली सर्जनशिळताय आमकां हांगाच दिसता. आयज 'आवय-भास' हें उतर आमचें सामकें संवकळीचें जालां. ताका लागून कोंकणी जिबेर तें सदांच घोळटालें जावंक जाय अशें आमकां दिसता. पूण, मराठी, गुजराथी, हिन्दी ह्या कोंकणीच्या भयण-भासांनी घोळपी मातृ-भाषा हें तत्सम उतर पळयतकच 'आवय-भास' शणै गोंयबाबानूच पयलें वयलें घोळणुकेंत हाडूंक नाशिल्लें मूं, अशें दिसले बगर रावना [१३] कोयती : कोयतूल, मडकी : मडकूल हे धाटणेचेर शणै गोंयबाबान भास : भासकूल (ल्हान भास), गिरो : गिरकुलो (planetoid) हीं उतरां घडयलीं. येणावळ, रुखावळ, भुतावळ सारकेल्या उतरां वरी तांणी नक्षरावळ (steller system), गिरावळ (planetary system) सुर्यावळ (Solar system), जिवावळ (animal kingdom), पाथावळ (background), तारखावळ, संक्षेपावळ (abbreviations), चुकावळ (erratum) सारकेलीं कितलींशीं नवीं, सामकीं कोंकणी उतरां घडयल्लीं.

शणै गोंयबाबाची प्रतिभा आमचे सगळ्यां लागीं आसतली अशें म्हणूं नज. पूण नवें उश्णें उतर कोंकणीत रिगोवचे आदीं वा 'कोंकणींत हें सांगूंक येना' म्हणचे आदीं आमी कोंकणींत कितें आसा ताचो आनी शणै गोंयबाबा सारकेल्या प्रतिभावंतांनी कोंकणींत जें आसा ताचो कसो वापर केला ताचो बारिकसाणेन अभ्यास करूंक जाय.

उतराच्या पांवड्या वयले भाशेचे बांदावळी वयल्यान १९ व्या शेंकड्यांत जाणकारांनी संवसारांतल्यो भासो तीन पंगडां भितर वांटून घाल्ल्यो -

१) वेगळावण्यो भासो - ह्या भासांतलें एक एक उतर एके एक मेकळें रुपीम आसता. देखीक, चिनी, वियेतनामी.

२) विकारी भासो - ह्या भासांनी एका उतरांत एका परस अदीक रुपिमां आसतात आनी तांच्यो शिमो एकीमेकीं भितर भरसल्ल्यो आसतात. देखीक, एस्किमो, संस्कृत, कोंकणी.

---

१३. शणै गोंयबाबाच्या बरपांत कांय कडेन 'दुदभास' हेंय उतर मेळटा.

३) चिकटण्यो भासो - ह्या भासांनी एका उतरांत एका परस अदीक रुपिमां आसतात आनी तांगेल्यो शिमो नितळ बऱ्यो दिश्टी पडटात. देखीक, स्वाहिली, तुर्की.

कोंकणी विकारी पंगडांतली भास. संस्कृत, ग्रीक, लॅटीन ह्योय विकारीच भासो, पूण कोंकणी परस त्यो चड विकारी.

वेगळावण्यो भासो, विकारी भासो आनी चिकटण्यो भासो हे भासांचे तीन सामके स्वतंत्र पंगड न्हय. भाशेचे बांदावळीचीं हीं फकत मुखेल लक्षणां - कोंकणी ही 'मुखेलपणान विकारी भास'. तिगेल्या व्याकरणांत वेगळावणे वा चिकटणे भाशेचीं लक्षणांय कांय प्रमाणांत आसूं येतात.

वाक्याचे बांदावळीचे नदरेंतल्यान आमच्यांनी संवसारांतल्या भासांचे वांटे घालूं ययेतात. जोजफ ग्रीनबर्ग हांणी हांगा मुळावो वावर केला.[१४] कर्तो (S), कर्म (O) आनी क्रियापद (V) ह्या वाक्याच्या मुखेल घटकांच्या क्रमा वयल्यान तांणी संवसारांतल्यो भासो SOV, SVO, VSO... असल्या पंगडांनी वांटून घाल्यो. कर्तो, कर्म आनी क्रियापद हांच्या क्रमा वयल्यान आमकां खरेपणानशीं स पंगड मेळूं येतात - SOV, SVO, VSO, VOS, OVS आनी OSV. पूण संवसारांतल्यो भासो हांतुतल्या पयल्या तीन पंगडांतूच, तांतुंतूय पयल्या दोन पंगडांतूच एकठाविल्ल्यो पळोवंक मेळटा. निमाणें OSV जातीची एकूय भास अजून मेरेन जाणकारांक मेळूंक ना. VOS आनी OVS ह्या पंगडांनीय खूब थोड्यो भासो आसपावतात. कोंकणी SOV भास जाल्यार इंग्लीश SVO भास - देखीक,

रवी आंबो खाता.

S O V

Ravi is eating a mango.

S V O

(२९ मार्च १९९७ दिसा अस्मिताय प्रतिश्ठानान मडगांवां कोंकणी व्याकरणाचेर घडोवन हाडिल्ले कार्यसाळेंत वाचिल्लो पेपर.)

---

१४. अदीक म्हायती खातीर पळयात : Comrie 1983.

आदारावळ :


**Atkinson, Martin, David Kilby and loggy Roca**

(1982) 1985 Foundations of General Linguistics
London : George Allen & Unwin.

**Comrie, Bernard**

(1981) 1983 Language Universals and Linguistic
Typology.
London : Basil Blackwell

**Fromkin, Victoria and Robert Rodman**

(1974) 1981 An Introduction to Language
Tokyo : Holt, Rinehart and Winston.

**Sardesai, Madhavi**

1986 Some Aspects of Konkani Grammar
M. Phil, Diss. Dept. of Linguistics,
Uni. of Poona

1983 भासाभास. प्रियोळ : जाग प्रकाशन

1997 स्वनीम-विचार-भाशेचें नादाचें व्याकरण